## Akashvani Panaji Goa National Bulletin 8.40am 29.05.24

**खेल खबरो सूरज ता. २९ मे.... वेळ सकाळी ८.९**

**1. अस्तंत बंगालांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो कोलकातांत पयलोच रोड-शो. आपल्या सरकाराचो सीएए नागरिकत्व कायदो, भ्रश्टाचार मुक्त प्रशासनाचेर प्रधानमंत्री प्रचारसभांनी उलयले**

**२. लोकसभेच्या सातव्या पांवड्यावेल्या वैचणूकेक दोन दीस बाकी आसतना प्रचार लैंगशेर, फाल्यां प्रचाराचो निमाणो दीस**

**३ - वेंचणूक आयोगान लोकसभा वेचणूकेच्या सळया पांवड्यार जाल्ल्या मतदानाचे निमाणे निश्चित आकडे जाहीर, ६३ पूज्य ३७ टक्के मतदान**

**४- बांगलादेशी नागरीक आनी रोहिंग्यांची भारतांत घुसखोरी करपी टोळयेच्या म्हत्वाच्या सूत्रधाराक एनआयएन केली अटक**

**५. अण्वस्त्र चाचणेविशीं भारताबरोबर आशिल्ले कबलातीचो पाकिस्तानान 1999त भंग केलो, पाकिस्तानाचे आदले प्रधानमंत्री नवाज शरिफ हांची कबूली**

**६. केरळ आनी लक्षद्विपांत शुक्रारमेरेन मोठ्या उटंगाराची शक्यताय, मान्सून बंगालची खाडी आनी अरबी दर्यात, उत्तर आनी मध्य भारतांत कालोराचें खर ल्हार**

**७. उझबेकिस्तानाचे ताश्कंतांत आशियायी आर्म रॅस्लिंग सर्त २०२४त भारताच्या पंगडान भांगरा पदकासयत जोडलीं सात पदकां.**

कोलकाता रोड-शो १५०

उत्तर लोकसभा वेंचणूकेच्या सातव्या आनी निमाण्या पांवड्याचो वेचणूक प्रचार तेंगशेर पावला आनी जाहीर प्रचाराचो एक दीस आसतना काल सांजे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो कोलकातांत महा रोड शो जालो. प्रधानमंत्र्यांचो हो कोलकातांत पयलोच रोड-शो. श्यामबाझार फायव्ह पॉयंट क्रॉसिंग ते शिमला स्ट्रिटाचेर स्वामी विवेकानंद हांचे पूर्वजांचे घरामेरेन सुमार अडेज किलोमिटर हो रोड शो जालो. प्रधानमंत्र्यांचे बरोबर अस्तंत बंगालाचे प्रदेश भाजपा फुडारी सुकांत मजूमदार आनी विधानसभेतले विरोधी पक्ष फुडारी सुर्वेंदू अधिकारी रोड-शोंत वांटेकार जाल्ले. ते आदीं प्रधानमंत्र्यांची नॉर्थ 24 परगनास जिल्ल्यांत बरसात लोकसभा मतदारसंघांत अशोकनगरांत आनी उपरांत बारूय्पूरांत प्रचारसभा जाल्यो.

आपले राजवटींत सरकारान भ्रश्टाचाराचे आड शून्य सहनशीलता दाखयल्या. काँग्रेस आनी इन्डी आघाडीचे घटकपक्ष हे लोकांचो न्ही, फक्त स्वताचो विचार करपाचे. अस्तंत बंगालांतल्या मतुआ समाजाक सरकारान नागरिकत्व दुरुस्ती कायदो, सीएए सकयल भारतीय नागरिकत्व दिलां, अशीय म्हायती प्रधानमंत्र्यांनी प्रचारसभेत उलोवपांत दिली. भाजपा उदरगतीखातीर आनी प्रगतीचें पर्व फुडें चालू दवरपाखातीर मतदारांचो कौल मागता, अशें भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जेपी नड्डा हिमाचल प्रदेशाच्या किन्नौर जिल्ल्यांत नानखारी आनी रोहरूंत प्रचारसभांनी उलयले.

ज्या प्रचार १००

इतले मजगतीं, कॉंग्रेस पक्षाच्यो राष्ट्रीय सरचिटणीस प्रियांका गांधी हाणीं भाजपा सरकाराचेर म्हारगाय आनी बेरोजगारीवेल्यान खर टीका केल्या. मोदी सरकार ह्या प्रस्नांचेर उपाय काडपाक अपेशी थारला, अशी टीका प्रियांका गांधी हाणीं

केल्या. त्या हिमाचल प्रदेशाच्या उना जिल्ल्यांत गाग्रेट मतदारसंघांत प्रचारसभेत उलयताल्यो. फाटल्या वर्सा हिमाचलांत आयिल्लें सैमीक अरिश्ट राष्ट्रीय अरिश्ट म्हण सरकारान घोशीत केलें ना. हाचेवेल्यानूय प्रियांका गांधी हाणीं सरकाराचेर टीका केली. मजगतीं, राजदचे मुखेली लालू प्रसाद यादव हाणीं बिहारांत पाटलिपुत्र मतदारसंघांत वेगवेगळ्या वांठारांनी राजदच्या उमेदवाराखातीर प्रचार केलो. हे खेपे लोकसभेची वेंचणूक ही आरक्षण आनी संविधान वाचोवपाखातीर जाता, अशें लालूप्रसाद यादव हाणीं म्हणलां. भाजपाचो चारसौ पारचो दावो हे वेंचणूकेत रोळेतलो, अशेंय यादव खबराकारांचे परिशदेंत उलयले.

सभा प्रचार टप्पो-7 १०५

लोकसभेच्या सातव्या पांवड्यावेल्या वैचणूकेक तीन दीस बाकी आसतना प्रचार लैंगशेर पावला. सातव्या पांवड्यार एकूण आठ राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी लोकसभेच्या ५७ सुवातांखातीर मतदान जातलें. ह्या पांवड्यार एकूण ९०४ उमेदवार वैचणूक रिंगणांत आसात. तातूंत उत्तर प्रदेश आनी पंजाबांत १३. अस्तंत बंगालांत ९. बिहारांत ८, ओडिशांत ६. हिमाचल प्रदेशांत ४. झारखंडांत ३. जाल्यार चंदिगढांल एके सुवालेखातीर मतदान जातले. सातव्या पांवड्यार वजनदार उमेदवारांमदीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, भाजपाच्यो कंगना रानावत, कॉंग्रेसीचे अजय राय, तशेच नॅशनल कॉन्फरन्स पक्षाचे फुडारी ओमर अब्दुल्ला हांचो आसपाव आसा. आतांमेरेन पयल्या पांच पांवड्यांनी सरासरी 65 टक्क्यांच्या म्हऱ्यान मतदान जालां. चवथ्या पांवड्यार सगल्यांत चड ६९ टक्के इतलें मतदान जालां. सगल्या सातूय पांवड्यांची मतमेजणी एकठांय ४ जूनाक जातली.

इसी व्होटर्स ७५

वेंचणूक आयोगान लोकसभा वेंचणूकेच्या सळ्या पांवड्या शेनवारा जाल्ल्या मतदानाचे निमाणे निश्चित आकडे जाहीर केल्यात. ह्या पांवड्यार एकूण ७ कोटी ५ लाख ४४ हजार ९३३ मतदारांनी मतदान केलां. ह्या पांवड्यार मतदानाची टक्केवारी ६३ पूज्य ३७ टक्के इतली जाल्या, अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. ह्या पांवड्याची एकूण निमाणी आकडेवारी मतमेजणी जाल्या उपरांत थारतली. पोस्टल मतमेजणी जाल्या उपरांतूच हो आकडो नाश्चित जातलो, अशें वेचणूक आयोगान म्हणलां. सळ्या पांवड्यार ५८ मतदारसंघांनी वॅचणूक जाल्ली. सातव्या पांवड्यावेल्या वेंचणूकेची मतदारसंघवार मतदार वेळेरीय वैंचणूक आयोगान ज्यारी केल्या.

स्तान शरीफ १२०

पाकिस्तानान वर्स 1999त भारताबरोबर आशिल्ले अण्वस्त्र कबलातीचो भंग केलो, हाची कबूली पाकिस्तानाचे आदले प्रधानमंत्री आनी पाकिस्तान मुस्लिम लीग, पीएमएल-एनाचे फुडारी नवाझ शरीफ हाणीं दिल्या. पीएमएल-एन पक्षाचे कार्यकारी मंडळाचे बसकेंत शरीफ ही गजाल उलयले. आपणें 28 मे 1998 त अण्विक चाचण्यो केल्यो. ताचे उपरांत तेन्नाचे भारताचे प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हाणीं लाहोराक भेट दिवन 21 फेब्रुवारी 1999त लाहोर कबलात केली. भारत आनी पाकिस्तानामदर्दी शांतिकाय उरची, हे नजरेन ही कबलात जाल्ली. मात ही कबलात जातनाच पाकिस्तानी सेनेन जम्मू आनी काश्मिराचे कारगिलांत घुसखोरी केली आनी ताकालागून कारगिल युद्ध जालें, अशें नवाझ शरीफ हाणीं म्हणलां. पक्षाचे कार्यकारी मंडळाचे बसकेंत नवाझ शरीफ हांची पीएमएलएन पक्षाचे अध्यक्ष म्हूण बिनविरोध नेमणूक जाली. सर्वोच्च न्यायालयान पनामा पेपर केशीं अपात्र थारायल्या उपरांत स वर्सांनी नवाझ शरीफ हाणीं हो पदभार घेतला.

STORY १५०

देशाच्या उत्तरी उदेंत्या वाठारांतल्यान बांगलादेशी नागरीक आनी रोहिंग्यांक घुसखोरी करून भारतांत हाडपी एका म्हत्वाच्या सूत्रधाराक राष्ट्रीय तपास यंत्रणा, एनआयएन अटक केल्या. अटक केला तो जलील मियां हो त्रिपूरांत रावपी. जलील हो ह्या मानवी तस्करी टोळयेंतलो म्हत्वाचो सूत्रधार आनी आरोपी जिबान रूद्र पालाचो म्हत्वाचो साथीदार, अशें तपासांत नजरेक आयलां. भारत-बांगला देशाच्या शिमेवेल्यान दर म्हयन्यांक मोठ्या प्रमाणांत बांगलादेशी आनी रोहिंग्या नागरिकांची भारतांत घुसखोरी जाता, अशें एनआयएक तपासांत नजरेक आयलां.

गूगल एआय हॅल्थ

कृत्रीम प्रज्ञा, म्हणल्यार एआयच्या मळार गूगलाबरोबर सहयोगान वावर जावपाची गरज केंद्रीय भलायकी सचीव अपूर्व चंद्र हाणीं उक्तायल्या. ते जिनेवांत संवसारीक भलायकी संघटनेचे ७७वे संवसारीक भलायकी आमसभेत उलयताले. ताणीं गूगलाचे मुखेल भलायकी अधिकारी डॉक्टर करेन दी साल्वो हांची भेट घेतली. गूगल रिसर्च आनी भारताच्या भलायकी मंत्रालयामदीं सहयोगान चालू आशिल्ल्या भलायकी मळावेल्या वावराविशीं ह्या वेळार उलोवप जालें. डिजिटल भलायकी माध्यम लोकांक सोपेपणान उपलब्ध जावचें, हे नजरेन बसकेंत चर्चा जाली. आयूशमान भारत डिजिटल हॅल्थ मिशनांत भलायकी मंत्रालयान गूगलाबरोबर चडांत चड सहयोगान वावर करपाचेर भर दिला.

आयएमडी ९०

नैऋत्य मान्सून तेंकिल्ल्यान केरळ आनी लक्षद्विपांत शुक्रारमेरेन मोठ्या उटंगाराची शक्यताय भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या. फुडल्या पांच दिसांत मान्सून केरळांत पावपाखातीर हवामान पूरक आसा, अशें हवामान खात्यान अदमासांत म्हणलां. बंगालचे खाडीचे दक्षिण, उदैते आनी मध्य अस्तंत, तशेच इशान्य वाठारांत मान्सून हे आदींच पातळळा. अरबी दर्याच्या कांय वांठारांनीय मान्सून पावला. अंदूचे वर्सा देशभर सामान्य मान्सूनाचो अदमास हवामान खात्या उक्तायला. तेवटेन, राजस्थान, पंजाब, हरयाणा, चंदिगढ, दिल्ली, उत्तर प्रदेश आनी मध्यप्रदेशांत आयच्या दिसामेरेन कालोराच्या खर ल्हाराचो अदमास आसा. हिमाचल प्रदेश, छत्तीसगढ, विदर्भ आनी जम्मू वांठारांनीय कालोराचे ल्हार आसतलें. फाल्यांसावन लोकांक कालोराचे ल्हारांतल्यान थाकाय मेळपाचो अदमास आसा.

## आर्म रेस्लिंग ८५

उझबेकिस्तानाचे ताश्कंतांत चालू आशिल्ले आशियायी आर्म रॅस्लिंग सर्त २०२४त भारताच्या पंगडान एकूण सात पदकां जोडल्यांत. तातूंत एक भांगरा आनी स काश्या पदकांचो आसपाव आसा. दोन वेगवेगळ्या गटांनी सर्तींत वांदेकार जाल्लया श्रीमंत झान भारताखातीर सगल्यांत बरी कामगिरी केल्या. ताणें दावखुऱ्या पॅरा गटांत भांगरा पदक जोडलें. उजकूऱ्या पॅरा गटांत काश्या पदक जोडलें.

## राष्ट्रीय रायफल्स

भारतीय राष्ट्रीय रायफल संघटना, एनआरएआयन आंतरराष्ट्रीय शूटिंग खेळां म्हासंघ आयएसएसएफाच्या संवसारीक सर्तीखातीर भारताचो २३ वांगड्यांचो पंगड

जाहीर केला. रायफल आनि पिस्टल प्रकारांत हो पंगड सर्तींत वांटेकार जातलो. जर्मनिच्या मुनिक शारांत ही संवसारीक शूटिंग सर्त जातली.